आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरा

18.04.2026 @ ७.20 pm

<u>मुखेल खबरो</u>

* 19 एप्रील ते 26 एप्रील ह्या काळात पणजे हांगा गोमंतक जनक भगवान परशुराम अवतरण महोत्सव आयोजित केला.

* लोकसभा आनी विधानसभेत बायलां खातीर एक-तृतीयांश आरक्षण लागू करपाच्या उद्देशान हाडिल्ले संविधान विधेयक लोकसभेत मंजूर जावंक शकले ना.

* शिरगांवचे लयराई देवीच्या जात्रेच्या फांटभुंयेर येरादारी विभागान येरादारी आनी पार्कींग वेवस्था केल्या.

* तमिळनाडू, कर्नाटक आनी महाराष्ट्र हांगा तयार जाल्ल्या उण्या दाबाच्या पट्ट्याक लागून 19 ते 21 एप्रील ह्या काळांत गोंयांत पावस पडपाची शक्यताय आसा.

राष्ट्रीय परशुराम परिषद गोंय विभाग तशेच म्हायती आनी प्रसारण खात्यान पणजेंत गोमंत जनक भगवान परशुराम अवतरण महोत्सव आयोजीत केला. गोंय मनरिजवण संस्थे मुखार आशिल्ल्या भगवान परशुराम पुतळयाच्या वाठारांत 19 ते 26 एप्रील २०२६ मेरेन हो महोत्सव जातलो अशी म्हायती परिशदेचे प्रेमपाल सिंग हांणी दिली. आयज पणजेंत जाल्ले पत्रकार परिशदेंत ते उलयताले. हे वेळार गजेंद्र सिंग राजपूत, डॉ. अमित नागर, महेश कांदोळकार हाजीर आशिल्ले. भगवान परशुराम हांच्या जयंती निमतान हो उत्सव मनयतात. गोंयची निर्मिती भगवान परशुराम हांणी केल्ली. देखून गोयातूय हो महोत्सव घडोवन हाडपाचें आमी थारायलां. हाचे आदीं आमी परशुराम संबंदीत गोंयांतल्या वेगवेगळया सुवातींक भेट दिल्या अशे ताणी मुखार सांगले. गोमंतक जनक भगवान परशुराम हांच्या जल्मदीसाचो उगडास करपी हो महोत्सव भारतभरांतले भक्त, आध्यात्मिक फुडारी, मानेस्त, आनी संस्कृतीक प्रतिनिधी हांच्या हजेरीत जातलो. भारताचे आध्यात्मिक दायज, सांस्कृतीक मुल्यां, आनी एकचाराचो संदेश मनयपाचो हेत या महोत्सवाचो आसा, तेच बरोबर गोंयाक तीर्थयात्रा आनी आध्यात्मिक पर्यटनाचे मुखेल केंद्र म्हण उबारपाच्या हेतान ह्या महोत्सवाक विशेश महत्व आसा अशे राष्ट्रीय परशुराम परिषद अध्याय - गोवा प्रदेशाचो अध्यक्ष प्रेमपाल सिंग हांणी म्हणला. 19 तारखेक परशुराम पुतळयांसावन कलश यात्रा

काडटले आनी उपरांत सांस्कृतीक कार्यावळी जातल्यो. महाआरती वरवीं ह्या महोत्सवाचें उक्तावण मुखेलमंत्री  दोतोर प्रमोद सावंत करतले, अशी माहिती प्रेमपाल सिंग हाणी दिली. ह्या महोत्सवांत 20 ते 24 एप्रील मेरेन परमपूज्य दिलीप कृष्ण भारद्वाज महाराज हांचे भगवान  परशुराम कथा वाचन सयत दिसपट्ट्यो कार्यावळी जातल्यो, तातूंत आध्यात्मिक शिकवण आनी भगवान परशुरामाच्या जिविता विशी पुर्विल्ल्या ग्रंथांतल्यान कथन करतले. भारतांतलो हो एक आगळोच उपक्रम आसा. ह्या महोत्सवादरम्यान दर दिसा सांजवेळा काशीचे पुजारी महाआरती करतले. 26 एप्रीलाक महोत्सवाची सांगता जातली.

पणजी शाराच्या सांत इनेज हांगा मटेरियल रिकव्हरी फॅसिलिटी (एमआरएफ) चें म्हामंडळाक शारदा मंदिर शाळेंतल्या यत्ता धावेच्या 69 विद्यार्थ्यांनी तांच्या 4 शिक्षकां सयत हालीच भेट दिली. ह्या भेटींत विद्यार्थ्यांक एमआरएफची भुमिका, जंय सुको कोयर आसा,  ओलो तशेच हेर तऱ्हेच्या कोयराचो विलो कसो लायता ताचो नियाळ घेतलो. ह्यावेळार विद्यार्थ्यांनी प्रस्न विचारुन कोयराच्या विल्याविशीची प्रक्रिय जाणुन घेतली. हांतुन घरगुती आनी वेपारी आस्थापनांचें वेवस्थापन आनी रिसायकलाचो कोयर, ओल्या कोयराचो ओरगेनिक तऱ्हेन कसो विल्हो लायता, कोयराचें बायोगॅसांत रुपांतर करतात, ताचो उपेग रांदपाखातीर करतात आनी जनावरांच्या आश्रयाक आदार दिता अशा साबार प्रक्रियेचे मार्गदर्शन मानेस्तांनी विद्यार्थाक केले. पणजे म्हापालिकेचे मेयर रोहित मोन्सेरात हांच्या फुडारपणाखाल केल्ल्या ह्या उपक्रमाक लागून विद्यार्थ्यांक कोयर वेवस्थापना विशीं खोलायेन म्हायती दिली.

माशेल – खांडोळेच्या सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालयाच्या कोंकणी विभागान, २४  आनी २५  एप्रिल अशे दोन दिस 'स्वयंपूर्ण कोंकणी रोजगार प्रशिक्षण शिबिर' आयोजीत केला. विद्यार्थ्यां मदीं स्वरोजगाराची आवड निर्माण करप, सांस्कृतीक जागृताय करप आनी कोंकणी भास आनी दायजा संबंदीत कार्यावळींनी तांचो वांटो वाडोवप हो ह्या शिबिराचो मुखेल हेत आसा. तारीख २४ एप्रिलाक पयल्या दिसा म्हाविद्यालयाच्या परिसंवाद हॉलांत उक्तावण सुवाळो जातलो. ते उपरांत कोंकणी विभागांतले तज्ञ प्राध्यापक दोन खाशेले व्याख्यानां दितले. हातूंत प्रा.डॉ प्रकाश वजरीकार आनी किरण पालकार वेगवेगळया विशयांचेर मार्गदर्शन करतले. दुसऱ्या दीसा खासा सत्रा वांगडाच थेट ‘फील्ड ट्रिप’ आयोजीत केल्या, जातूंत विद्यार्थ्यांक वेव्हारीक काम करपाचो अणभव आनी प्रशिक्षण दितले. शिबिरा खातीर प्रवेश शुल्क घेवचे नात.

शिबिर येसस्वीपणान पुराय करपी सगळ्या सहभागी विद्यार्थ्यांक हाजीरी प्रमाणपत्र दितले अशे म्हाविद्यालयाच्यो  प्राचार्य प्रा.डॉ.  पूर्णकला सामंत हांणी कळीत केलां.

लोकसभा आणि विधानसभेत बायलां खातीर एक-तृतीयांश आरक्षण लागू करपाच्या उद्देशान हाडिल्ले संविधान (१३१ सावी दुरुस्ती) विधेयक लोकसभेत मंजूर जावंक शकले ना. लोकसभेत उपस्थित आशिल्या एकूण ५२८ सदस्यांपैकी, या विधेयकाक ३५२ मतांचे दोन-तृतीयांश बहुमत मेळपाक शकलेना. विधेयकावेल्या मतदाना वेळार, २९८ खासदारांनी विधेयकाच्या वटेन जाल्यार २३० खासदारांनी विरोधात मतदान केले. लोकसभा अध्यक्ष ओम बिरला हाणी मतदानाचो निकाल जाहीर करताना सांगले की, विधेयक मंजूर जावपाक आवश्यक बहुमत मेळुंक नाशिल्यान या कायद्यार मुखार वचप शक्य ना. विरोधी आघाडीचेर टीका करताना गृहमंत्री अमित शाह हांणी म्हणले की, बायलांक हक्क दिवपाच्या निर्णयांत विरोधकांनी सदाच माघार घेतल्या आनी सगळ्या विशयात तांचो विरोधुच आसता. गृहमंत्र्यांनी विधेयक अयशस्वी जाल्याची खोस मनोवपी विरोधी पक्षांचेर टीका केली. Byte

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज रातीं 8.30 वरांचेर राष्ट्राक उदेद्शून उलोवप करतले. बायलां आरक्षण दुरुस्ती विधेयक लोकसभेंत संमत जावपाक जाय आशिल्लें, दोन तृतियांश भोवमत मेळोवंक अपेस आयिल्ल्याच्या फाटभूयेर हे उलोवप आसा.

शिरगांवचे लयराई देवीच्या जात्रेच्या फांटभुंयेर येरादारी विभागान येरादारी आनी पार्किंग वेवस्था केल्या. 21 एप्रिल दिसा जात्रा आनी 22 ते 25 एप्रिल मेरेन कौल जातलो. लयराई देवीच्या जात्रे खातीर थिवी वटेच्यान येवपी कार आनी दोन चाकी वाहनां अस्नोडा हांगा नव्या बायपास रस्त्यान पार्किंग करपा खातीर वळोवपात येतली. थिवी वटेच्यान येवपी बसी अस्नोडा बस स्टॅण्डा वयल्यान पार्किंगे खातीर मुळगांवां शिंपणावळ खात्याच्या उकत्या मैदानाचेर धाडटले. दिवचल, साखळी, वाळपय वटेच्यान येवपी बसी, कार आनी दोन चाकी वाहनां पैरा हांगा वळोवन शिरगांवां लयराई देवीच्या देवळा फाटल्या, साळगांवकर आनी चौगुले खण सुवातेत पार्किंग करपाक धाडटले. लयराई देवीच्या जात्रेक वाहनां घेवन येवपी सगळ्या वाहनधारकांनी वयल्या वेवस्थेची नोंद घेवन आपलो येरादारीचो मार्ग थारावचो आनी सुरळीत येरादारी खातीर येरादारी विभागाक सहकार्य करचे.

तमिळनाडू, कर्नाटक आनी महाराष्ट्र हांगा तयार जाल्ल्या उण्या दाबाच्या पट्ट्याक लागून 19 ते 21 एप्रील ह्या काळांत गोंयांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्यान19 एप्रीलाक पावसाचो येलो अलर्ट जारी केला.  फुडले 6 दीस राज्यांत चडांत चड तापमान 33 ते 35 अंश सेल्सियस मदीं आसपाची  शक्यताय आसा.

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल २०२६ मेरेन अर्ज करू शकतात. संपादकीय सहाय्यक पदाखातीर वय २५ ते ५० विद्यापीठाची पदवी,पत्रकारितेत डिप्लोमा आणि तीन वर्सांचो पत्रकारितेचो अणभव. वृत्तवाचक पदाखातीर वय 25 ते 50,पदवी, कोकणी भाषेत निपुणता आणि कॅमेऱ्या मुखार सहज संवाद साधता येवपासारके व्यक्तिमत्व आसप गरजेचे. सीजी ऑपरेटर पदावातीर, २१ ते ५० वर्सा आनी संगणक प्रमाणपत्रा सयत १२ वी उत्तीर्ण गरजेचे. वेबसाइट सहाय्यक पदाखातीर पदवी सयत पत्रकारिता वा जनसंवादात डिप्लोमा जाय. पात्र उमेदवारांनी आपलो बायो-डेटा, रंगीत फोटो आनी कागदपत्रा उपसंचालक (वृत्त), दूरदर्शन केंद्र, आल्टिन्हो, पणजी हांगा दिवची.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण गोयात कमाल तापमान ३३.६  डिग्री celcius जाल्यार किमान तापमान २५.५ डिग्री celcius नोंद जाला.